Panaji Regional 16th February 2026 7.25am

Rashmi -

देव, देश आनी धर्म महत्वाचे आसा, आनी तांचेविंशी आम्ही जवाबदारीन वागपाक जाय. गोंय हे धर्मिक तशेचं गिरेस्त संस्कृताय आशिल्ले राज्य अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या धर्मिक पर्यटनात गोवेश्वर मंदिर हे निश्चितुच महत्वाचे धर्मिक थंळ थारतले असो विसवास मुखेलमंत्र्यान उक्तायलो.

गोवेशेवर महाशिव मंदिराचो काल प्राणप्रतिश्ठा आनी कलशरोहण सुवाळो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जालो. ह्यावेलार तांची घरकान्न सुलक्षणा सावंत हाजीर आशिल्ली. कार्यावळीच्या दुसऱ्य सत्रात गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी मंदिरात भेट दिवंन देव दर्शन घेतले.

sushant -

कार्निवल उस्तवाचो काल दुसरो दीस, त्या निमतान काल मडगाव शारांत चित्ररथ मिरवणूक जाली पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हाणी होली स्पिरिट चर्च चौकात ह्या मिरवणुकेक बावटो दाखोवन सुरवात केली. ह्यावेळार भौषिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकर, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर आणि हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.होली स्पिरिट चर्च चौकात सुरू जाल्ली ही मिरवणूक नगरपालिका चौकात सोपली . हि मिरवणूक पळोवंक रस्त्याच्या दोनूय वाटानी लोकांनी गर्दी केल्ली.कार्निवला निमतान साष्टी तालुक्यातल्या वेगवेगळ्या गावांनी पारंपरिक खेळ आणि हेर कार्यावळी चालू आसात. शेनवारा फातोर्ड्या वी फॉर फातोर्डा हे संस्थेन कार्निवल ब्लास्ट ही कार्यावळ घडवन हाडतना मिनी चित्ररथ मिरवणूक घडवन हाडली . हे मिरवणुकेत आमदार विजय सरदेसाय हेय वाटेकार जाल्ले.

Jan -

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान 19 तारखेक फर्मागुडी -फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जयंती निमतान हायस्कूल आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यां खातीर छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जिविताचेर आनी कार्याचेर अखिल गोंय नाटक प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालय क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त सकाळीं 9

सावन फार्मागुढी हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानाच्या आवारांत जातली.नाटक सादरीकरणा खातीर चडांत चड पांच मिनटां दितले. सर्तींतल्या जैतिवंतांक रोख पुरस्कार दितले. पयलो 10 हजार रुपया, दुसरो 7 हजार आनी तिसरो 5 हजार रुपया रोख अशीं ही इनामां आसात. सर्तींत वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्यां विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी 17 तारखे आदीं कार्यालयीन वेळार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याक नोंदणी करची. चड म्हायती खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे श्याम गांवकार हांचेकडेन संपर्क सादचो अशें ह्या खात्यान कळीत केलां.

Weather –

आयतारा पणजेत चडांत चड तापमान 34.4 अंश आनी उण्यांत उणें 20.2 आशिल्लें जाल्यार मुरगांवां चडांत चड तापमान 34.4 अंश आनी उण्यांत उणें 20. अंश आशिल्लें. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 21 ते 22 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. राज्यांतल्या काय सुवातींनी सकाळी मध्यम प्रमाणात धुके पडपाची शक्यताय आसा. भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत कालोर जावपाची शक्यताय आसा.

Cricket –

कर्नल सी. के. नायडू (अंडर-23, चार दिसांची मॅच) एलीट क्रिकेट सर्तींत गोंयान जम्मू- काश्मीराचेर 146 धांवड्यांनी जैत जोडलें आनी ही मॅच फकत तीन दिसांत सोंपयली. जम्मूच्या हॉस्टेल मैदानाचेर ही मॅच जाली.

Football – 50

अखिल भारतीय फुटबॉल संघटणेन 2025-26 वर्साच्या इंडियन फुटबॉल लीग कार्यावळीचे वेळापत्रक जाहीर केला. हि सर्ट 27 फेब्रुवारी 2026 सावन सुरू जातली.पयल्या दिसा दोन मॅची जातल्यो. महासंघाच्या म्हणण्या प्रमाण पयली मॅच नामधारी एफसी आनी आयझोल एफसी हांचे मदीं जातली. दुसरे मॅच चानमारी एफसी आनी गोकुलम केरळ एफसी हांचे मदीं जातली.